# Panaji National News

**30 April 202** **6.30pm**

90 **रेल्वे मंत्री**

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी आयज जम्मू तवी रेल्वे स्टेशना वयल्यान विस्तारीत श्रीनगर-जम्मू वंदे भारत एक्सप्रेस सेवेचो बावटो दाखओन शुभारंभ केलो. पयलीं श्रीनगर सावन श्री माता वैष्णो देवी कतरा मेरेन चलपी ही गाडी आतां जम्मू तवी मेरेन वयतली .विस्तारीत मार्गाचेर नेमान सेवा शेनवारा सुरू जातली. आतां ही गाडी आठ डब्यां बदला 20 डब्यांची आसतली, जाका लागून क्षमता, जोडणी आनी सोयी खूब वाडटल्यो . वंदे भारत रेल्वेचो विस्तार जाल्ल्यान प्रवाशांक जम्मू-श्रीनगर हांचे मदीं पांच वरां परस उण्या वेळान प्रवास करपाक मेळटलो. केंद्रीय राज्यमंत्री जितेंद्र सिंग आनी मुखेलमंत्री उमर अब्दुल्ला हेय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

**80 राजनाथ सिंग**

भारत खंयचेय परिस्थितींत आतंकवादी कृती सोंसचो ना असो संदेश ऑपरेशन सिंदूर मोहिमेंत संवसाराक दिला अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हटला.नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय सुरक्षा शिखर सभेंत त्ये उलयतले .श्री सिंग हांणी सांगलें की, भारत आतां त्या पोरन्या मानसिकतेतलो देश उरुंक ना, जंय आमच्या मातयेचेर आतंकवादी हल्ले जातात, आनी आमी फकत राजकीय विधानां करताल्ये. आतंकवाद आनी ताचे प्रायोजक हॉनच्या मधी कासलोच, भेद करचे ना ह्या धोरणाचो तानी पुनरुच्चार केला. पाकिस्तान हें आंतरराश्ट्रीय आतंकवादाचें केंद्र आनी भारत हें म्हायती तंत्रगिन्यानाचें केंद्र अशें तांणी मुखार म्हटला.

**हज यात्रा सुलभ 70**

दरेका भारतीय मुसलमानाक हज यात्रा सुलभ आनी परवडपी करपा खातीर मंत्रालय कटिबद्ध आसा अशें अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्रालयान आयज सांगलें. हज विमान भाडें वाडपा संबंदी जायत्या मिडिया प्लॅटफॉर्मांचेर हुस्को निर्माण जाल्ल्यान मंत्रालयान सोशल मिडिया पोस्टांत हे स्पष्ट केला. अस्तंत आशियांतल्या संकश्टा मदीं इंधन खर्च वाडला म्हुण विमान कंपन्यांनी तीनशे ते चारशे डॉलर्सची मागणी केल्ली; मंत्रालयाने दर यात्रेकरू फाटल्यान शंभर डॉलर्स ही मर्यादा निश्चित केली, जाकालागून दोनशे ते तीनशे डॉलर्सची बचत झाली .

100

इंडिया पोस्ट पेमेंट्स बँकेन (IPPB) आयज आपल्या, आप मजत गट (SHG) बचत खात्याची घोषणा केली. गावगिऱ्या भारतातल्या बायल फुडारपणखालच्या आप मजत गटांक सक्षम करप आणि आर्थिक समावेशनाक चालना दिवप ,हे या खात्याचे एक खास उद्दिष्ट आसा. हे खाते एक सोपो, सुलभ आणि विना-शुल्क बँकिंग उपाय दिता ,जो सर्वसमावेशक उदरगत आणि शाश्वत उपजीविकेच्या राष्ट्रीय प्राधान्यक्रमाकडेन सुसंगत आसा अशे संचार मंत्रालयान म्हटला. ताच्या खाशेलपणां मदीं उण्यांत उणी सुरवातीची ठेविची गरज ना, म्हयन्याळी सरासरी शिल्लकाची गरज ना, चडांत चड दोन लाख रुपया शिल्लक मर्यादा, खातें बंद करपाचो शुल्क ना आनी क्यूआर कार्ड जारी करपाचो कसलोच शुल्क आकारचे ना.

**100 अपर्णा शर्मा**

देशात साऱ्याची उपलब्धता फ़ावो तितली आसून, खरीप २०२६ हंगामाखातीर गरजे परस पुरवण चड आसा अशे सरकरान सांगला . आयज नवी दिल्लीत एका पत्रकार परिषदेत उलयताना ,सारे विभागाच्यो अतिरिक्त सचिव अपर्णा शर्मा हाणी सांगला की, सारेच्ये देशांतर्गत उत्पादन ६२.३७ लाख मेट्रिक टन जाला जाल्यार आयात सुमार १५.३९ लाख मेट्रिक टन आसा., ताका लागून चालू कालावधीत एकूण उपलब्धता सुमार ७८ लाख मेट्रिक टन झाल्ली आसा .अशी तानी माहिती दिली. ३८ लाख मेट्रिक टन युरिया आणि १९ लाख मेट्रिक टन फॉस्फेटिक आनी पोटॅसिक सारे मिळवपा खातीर जागतिक निविदा काढल्यात . देशातली सारे सुरक्षा घटमूठ , स्थिर आणि सुव्यवस्थित आसा. अशे तानी स्पष्ट केला.

**खेळ**

आय. पी. एल. क्रिकेट सर्तींत  आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी मैदानाचेर  गुजरात टायटन्स आनी   रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू  हांचा मधी  सांजवेळा 7.30 वरांचेर खेळ सुरू जातलो .

हवामान

हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसां खातीर अस्तंत राजस्थानाचेर उश्णताय ल्हारांचो अदमास काडला. दर्यादेगेच्या वाठारान उश्ण आनी दमट हवामान आसतले.फाल्यां अरुणाचल  प्रदेश, आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांचेर व्हड पावस पडपाचो अदमास आय एम डीन उक्तायला.  केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी  आनी  कराईकल  हांगा  2  मे  मेरेन  व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो.